**मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर  मुक्ती दीस मनयलो**

ता. 19 डिसेंबर 2020

उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी मडगांवा माथानी साल्डाणा प्रशासकीय प्रकल्पात आयोजीत जिल्हा पांवड्यावयल्या 60व्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो ह्वबयलो आनी पुलीस पंगडाच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना दिली.

सुवाळ्यात उलयताना श्री. कवळेकर हांणी गोंय हे शेतीप्रधान राज्य करपा खातीर सरकारान आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय अभियानाखाला शेती मळार उदरगत करपाचेर भर दिल्ल्याचे सांगले. प्रत्येक तालुक्यात शेतकरी उत्पादक संघ स्थापन करप, सेंद्रीय उत्पादनांचेर भर दिवप आनी शेतकारांक आपले उत्पादन वाडोवपाक मदत करपात येतली, असें तांणी सांगले.

शेतकी खात्यावतीन शेतकारांच्या फायद्याखातीर अनेक येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता. शेतकारांक ट्रॅक्टर, पॉवर टिलर, व्हिड कटर आनी हेर शेती लागवडीची आयुंदां घेवपा खातीर अनुदान दितात. सरकारान राज्यांतले काजू उत्पादन वाडोवपा खातीर काजू उत्पादकांक कृशी कार्ड दिवपाचो निर्णय घेतला, अशेंय उपमुख्यमंत्र्यान सांगले.

श्री. कवळेकर हांणी कुमेरी आनी रान वाठरांतल्या शेतकारांचे प्रस्न सोडोवपात येतले म्हणपाचे सांगून शेती मळार उदरगत करून शेती उत्पादन वाडोवपा खातीर शेतकारांनी सहकार्य करपाचो उलो तांणी ह्या वेळार मारलो.

उपमुख्यमंत्र्यान गोंयच्या लोकांक मुक्ती दिसाची परबीं भेटयली आनी गोंय मुक्ती खातीर स्वातंत्र सैनिकांनी केल्ल्या त्यागाचो उगडास करून तांकां नमन केले. तशेंच तांणी राज्याच्या सर्वांगी उदरगती खातीर लोकांनी सरकाराच्या प्रयत्नांक सहकार्य करपाचोय उलो मारलो.

उपमुख्यमंत्र्याक सुवाळ्याच्या स्थळार जिल्हाधिकारी श्री. अजीत रॉय आनी पुलीस अधिक्षक श्री. पंकज कुमार सिंग हांणी येवकार दिलो.

आमदार श्री. आलेक्स रेजिनाल्डो लॉरेन्स, श्री. विल्फ्रेड डिसा, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. आग्नेलो फर्नांडिस आनी श्री. सुरेंद्र नाईक, सरकारी अधिकारी आनी स्वातंत्र्य सैनिक सुवाळ्याक हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/745

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji